# पत्रकारांखातीर पेन्शन आनी लॅपटॉप/कॅमेरा खरेदी येवजण

ता. 29 एप्रिल 2022

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान गोंय राज्यांतल्या पत्रकारांच्या कल्याणाखातीर दोन येवजण्यो अधिसूचित केल्यात. खात्यान 'गोंय राज्य कार्यरत पत्रकार कल्याण येवजण आनी 'पत्रकारांखातीर लॅपटॉप/कॅमेरा खरेदी मजत येवजण 20 21' अधिसूचीत केल्या.

गोंय राज्य कार्यरत पत्रकार कल्याण येवजण ही पयलीच्या गोंय राज्य कार्यरत पत्रकार कल्याण येवजण नेम 2002 सुदारणा करून अधिसूचीत केल्या आनी हे येवजणेखाला पत्रकार तांच्या सेवानिवृत्ती उपरांत पेन्शनाखातीर पात्र आसात. जे लाभार्थी ह्या येवजणेखाला आदीच लाव घेतात ते ह्या येवजणेत नावनोंदणी करपाक शकतात. तांकां परत अर्ज करपाची गरज ना.

आतामेरेन 55 लाभार्थी ह्या येवजणेचो लाव घेतात. मुख्यमंत्र्यान सभाघरांत दिल्ल्या आस्वासना प्रमाण लाभार्थींक 7500/- रूपया जाग्यार 8500/- रुपया निवृत्ती वेतन मेळटले आनी कुटुंब निवृत्तीवेतनधारकांक एप्रिल 2022 सावन 50% पेन्शन मेळेटले.

खंयचोय पत्रकार जो 15 वर्सां गोंयचो रहिवासी आसा आनी गोंयांतल्या खंयच्याय वृत्तपत्र/माध्यम आस्थापनातल्यान 18 वर्सांच्या सेवे उपरांत सेवानिवृत्त जाल्लो आसा, तो पिरायेची 60 वर्सां पुराय जाल्या उपरांत ह्या येवजणेचो लाव घेवपाक पात्र आसा.

जे पत्रकार कमीत कमी 8 वर्सां पूर्णवेळ पत्रकार आसात आनी हेर खंयचेच काम करीना आनी फकत पत्रकारीता करून उपजीविका चलयता अशा पत्रकारांखातीर 'पत्रकारांखातीर लॅपटॉप/कॅमेरा खरेदी मजत येवजण खात्यान सुरू केल्या.

ह्या पयलीच्या येवजणेचो लाव घेतिल्ले पत्रकांर ह्या येवजणेचो लाव घेवपाक पात्र आसचे ना.

ज्यांकां दोनीय येवजण्यांचो लाव घेवपाचो आसा, तांणी आवश्यक दाखल्यांसयत आवश्यक अर्ज म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्यात सुपूर्द करचे.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/310

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji